# <u>16 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस</u>

ता. 6 ऑक्टोबर 2017
15 कार्तिक 1939

गोंयातल्या प्रसार माध्यमावतीन ता. 16 नोव्हेंबर 2017 दिसा राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस मनयतले. ''प्रसार माध्यमामुखावयली आव्हांना'' अशी ह्या वर्साच्या राष्ट्रीय पत्रकारीता दिसाची संकल्पना आसा. भारतीय पत्रकारीता मंडळाच्या स्थापनेच्या दिसानिमतान प्रत्येक वर्सा हो दिस मनयतात.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं 16 नोव्हेंबर 2017 दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर पणजीच्या मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरात राष्ट्रीय पत्रकारीता दीस कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले. माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याचे सचिव ह्या कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे म्हुण उपस्थित रावतले. माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकार संघ, छायापत्रकार संघटना, इलेक्ट्रॉनिक प्रसार माध्यम संघटना, खेळा पत्रकार संघटना आनी दक्षिण गोंय पत्रकार संघटनेच्या जोड पालवान ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

लोकसत्ता, मुंबयचे मुख्य संपादक श्री. गिरीष कुबेर हे मुखेल वक्ते म्हुण प्रसार माध्यमामुखावयल्या आव्हांनाचेर उलवप करतले. जेश्ठ पत्रकार श्री. अरविंद धुरी, श्री. अब्दूल रोफ बेंग, आनी श्री. मंगेश बोरकर हांचो ह्या वेळार पत्रकारीतेतल्या योगदानाखातीर मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं सत्कार जातलो. तशेंच पत्रकार पुरस्कार आनी छायाचित्र सर्तीच्या जैतवंताक इनामां भेटयतले.

16 नोव्हेंबराक भारतीय पत्रकारीता मंडळाचे स्थापना जाली आनी पत्रकारीतेचो दर्जो राखपाच्या दृश्टीन मंडळाचे काम चालू आसा.